# अनुसूचीत जमाती आनी अनुसूचीत जातीतल्या गुणवान विद्यार्थ्यांक फुकट लॅपटॉप भेटयले

ता. 30 नोव्हेंबर 2022

गोंय राज्यांत म्हायती तंत्रज्ञान क्षेत्रात विकास करपा खातीर विद्यार्थी वर्गान योगदान दिवपाचो उलो म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक आनी कम्युनिकेशन खात्याचे मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी मारला. श्री. खंवटे आयज पणजे गोंय करमणूक संस्थेच्या सभाघरांत म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक आनी कम्युनिकेशन खात्यान अनुसूचीत जमाती आनी अनुसूचीत जातीतल्या गुणवान विद्यार्थ्यांक फुकट लॅपटॉप भेटोवपा खातीर आयोजीत कार्यक्रमात उलयताले.

अनुसूचीत जमाती आनी अनुसूचीत जातीतल्या गुणवान विद्यार्थ्यांक आयटी क्षेत्रात आपले कॅरियर करपाक सोपे जावचे म्हूण खात्यान फुकट लॅपटॉप भेटोवपाची येवजण सुरू केल्या. खात्यान आयज गोंय इन्फो-टॅक म्हामंडळामार्फत प्रत्येक म्हालातल्या 10 एसटी आनी 10 एससी वर्गातल्या विद्यार्थ्यांक लॅपटॉप भेटयले.

फुडें उलयतना श्री. खंवटे हांणी गोंय सरकार राज्यांत आयटी मळार आवश्यक साधनसुविधा निर्माण करून आयटी उद्देगांक प्रोत्साहन दिवपाक आनी गोंयच्या तरणाट्यांक राज्यांतच बऱ्यो रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करून दिवपाक कटीबद्द आशिल्ल्याचे सांगलें. गोंय सरकारान स्टार्टअप धोरणाची अंमलबजावणी करून आयटी मळार उद्देग सुरू करपाक युवकांक अर्थिक मदत दिवपाक सुरूवात केल्या, अशें तांणी सांगलें.

राज्यांतल्या प्रत्येक गावांत हायस्पिड इंटरनेट सुविधा पावोवपाखातीर हर घर फायबर येवजण सुरू करपाची येवजण आसा, अशेंय श्री. खंवटे हांणी सांगलें.

इन्फोटॅक कॉर्पोरेशनाचे अध्यक्ष डॉ. चंद्रकांत शेट्ये हांणी आपल्या भाशणात जीणेत यशस्वी कॅरियर घडोवपा खातीर शिस्त आनी परिश्रम आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगून आयटी क्षेत्रात कॅरियर घडोवपा खातीर गोंयच्या विद्यार्त्यांमदी भरपूर तांक आशिल्ल्याचे म्हणलें. तांणी विद्यार्थ्यांक उपलब्ध सुविधांचो फायदो घेवन आयटी मळार राज्याक नावलौकीक मेळोवन दिवपाचोय उलो मारलो.

आदिवासी कल्याण खात्याच्यो संचालक श्रीमती त्रिवेणी वेळीप हांचेय ह्यावेळार उलवप जाले.

म्हायती तंत्रज्ञान, इलेक्ट्रॉनिक आनी कम्युनिकेशन खात्याचे सचीव श्री. संजीव आहुजा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. संचालक श्री. प्रविण वळवटकर हांणी निमाणे उपकार मानले. श्रीमती सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/742

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji